२७-०६-२०२५

सकाळी - ८.४० राश्ट्रीय खबरो

मुखेल खबरो :

- भारतीय अंतराळवीर शुभांशु शुक्लाचे अंतरराश्ट्रीय अंतरीक्ष स्थानकात पावप हो देशाखातीर थारलो गौरवशाली इतिहासीक खीण.

- ऑपरेशन सिंधूखाला भारतीयांक भारतात परत हाडपाच्या यत्नात सहकार्य केल्याविशी भारतान इस्रायल, इराण, जॉर्डन, इजिप्त, आर्मेनिया आनी तुर्कमेनिस्तानचे मानले उपकार.

- भगवान जगन्नाथांची नामनेची वर्सूकी रथयात्रा आयजसावन ओडिशातल्या पुरीत सुरू.

- क्वाड विदेश मंत्र्यांची बसका १ जुलैसावन अमेरीकेतल्या वॉशिंगटन डीसीत जातली सुरु.

- दादल्यांच्या हॉकी इंडिया मास्टर्स कपचो निमणो खेळ आयज जातलो चेन्नयत.

बिहार वेचणूक - ६०

विधानसभा वेचणूकेच्या तयारीचो नियाळ घेवपाखातीर बिहार दौऱ्यार आशिल्ले वेचणूक आयोगाचे ९ वांगडी आयज मतदार नोंदणी अधिकाऱ्यांवांगडा बसका घेतले. वेचणूक आयोगाचे पथक बुधवारा तीन दिसांच्या राज्य दौऱ्यार पाटणात

पावले. काल, वेचणूक आयोगान राज्याचे मुखेल वेचणूक अधिकारी विनोद सिंग गुज्याल हांचेवांगडा जाल्ल्या बसकेत  मतदार वळेरींची तपासणी केली. मुखेल वेचणूक अधिकाऱ्यांनी बुधवारा ह्या संदर्भात वेगवेगळ्या राजकी पक्षांवांगडा बसका घेतली.

व्ही. सोमन्ना - १००

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या दूरदृष्टीक लागून रेल्वे मुळावी सुविधा विकसित जाल्या आनी देशाच्या वेगवेगळ्या वाठारांनी जोडणी वाडल्या अशें केंद्रीय रेल्वे आनी जलशक्ती राज्यमंत्री व्ही. सोमन्ना हांणी म्हळां. काल चेन्नईतल्या पेरांबूरात एकात्मिक कोच फॅक्टरीच्या उक्तावण सुवाळ्यात ते उलयताले. सोमन्ना म्हणाले की मोदी सरकारच्या मेक-इन-इंडिया उपक्रमाक लागून उत्पादन आनी उत्पादनाक चालना मेळ्ळ्या अशेंय तांणी म्हळे.

एकात्मिक कोच फॅक्टरीच्या अभियंत्यांच्या कार्यक्षमतेक लागून हे यस मेळ्ळ्या अशें रेल्वे क्षेत्रातल्या सरकारच्या महत्त्वपूर्ण कामगिरीचो उल्लेख करताना ताणी सांगले. कोच फॅक्टरीत दरवर्सा ५० गाड्यो तयार करता. फाटल्या वर्सा कारखान्यात ३७०० कोच तयार केल्ले आनी ह्यावर्षी ४२०० कोच तयार करपाचे मोख दवरला अशेंय केंद्रीय रेल्वे आनी जलशक्ती राज्यमंत्री व्ही. सोमन्ना हांणी सांगले.

शुभांशू शुक्ला - १३०

काल भारतीय वेळेप्रमाण सांजे ४क स्पेसएक्स ड्रॅगन अंतराळयान, भारतीय वायुसेनेचे ग्रुप कॅप्टन शुभांशू शुक्ला हांच्यासयत ॲक्सिओम-४ क्रूक घेवन, ISS म्हळ्यार आंतरराष्ट्रीय अंतराळ स्थानकात  पावले आनी भारतान इतिहास घडयलो. शुभांशू शुक्ला आंतरराष्ट्रीय अंतराळ स्थानकात पावपी पयले भारतीय अंतराळवीर थारला. राकेश शर्मा उपरांत शुभांशू शुक्ला हे अंतराळात वचपी दुसरे भारतीय थारले. ह्या इतिहासिक मोहिमेत अमेरिका, भारत, पोलंड आनी हंगेरीतले

चार अंतराळवीरांक लो अर्थ ऑर्बिटात १४ दिसांच्या वैज्ञानिक मोहिमेखातीर आयएसएसचेर धाडला. शुक्ला अन्न आनी अवकाश पोषणाकडेन संबंधित अग्रगण्य प्रयोग करतले. विज्ञान आनी तंत्रगिज्ञान मंत्री डॉ. जितेंद्र सिंह यांनी भारतीय वायुसेनेचे ग्रुप कॅप्टन शुभांशू शुक्ला आनी ॲक्सिओम-४ मिशन टीमचे आंतरराष्ट्रीय अंतराळ स्थानकाचेर यसस्वी डॉकिंग केल्ल्याविशी परबी भेटयल्या. खबराकारांकडेन उलयतना डॉ सिंग हांणी ह्या मिशनांत भारताची म्हत्वाची भुमिका आसा अशें म्हळा. हे मोहिमेक म्हत्वाचे भाग करपा खातीर भारताचेर विस्वास दवरला अशेंय तांणी हेवेळार सांगले.

राजनाथ सिंग - ७०

किंगदाओत शांघाय सहकार्य संघटनेच्या संरक्षण मंत्र्यांच्या बसकेवेळार संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हांणी  चीनचे संरक्षण मंत्री ॲडमिरल डोंग जून हांचेकडेन स्वतंत्र चर्चा केली. तांणी परस्पर संबंधांविशी मुद्द्यांचेर रचनात्मक विचार हेवेळार मांडले अशें सोशल मीडिया पोस्टात संरक्षण मंत्री सिंग हांणी म्हळे. संरक्षण मंत्र्यांनी ६ वर्साउपरांत कैलास मानसरोवर यात्रा परतून सुरू जाल्ल्याविशी खोस उक्तायली. दोनूंय वटेन हे सकारात्मक वातावरण राखप आनी द्विपक्षीय संबंदात गुंतागुंत टाळप हे महत्वाचे, अशेंय तांणी हेवेळार सांगले.

जगन्नाथ रथ यात्रा - ५०

भगवान जगन्नाथांची नामनेची वर्सूकी रथयात्रा आयजसावन ओडिशातल्या पुरीत सुरू जाता. जून-जुलैयात जावपी ह्या नामनेच्या उत्सवावेळार,  भगवान जगन्नाथ, तांचे व्हड भाव बलभद्र आनी धाकली भैण देवी सुभद्रा हांच्यो मूर्ती रथात बसोवन तांचे मावशीच्या घरा, गुंडीचा मंदिरात वचपाची तयारी करतात. ९ दिस हे रथ गुंडीचा मंदिरात रावतात.

## गुजरात रथयात्रा - ५०

गुजरातातल्या भगवान जगन्नाथाची १४८ वी वर्सूकी  रथयात्रा आयज सकाळी अहमदाबादेत खर सुरक्षेत सुरू जाली. परंपरेप्रमाण, इतिहासिक रथयात्रेक जमालपूर वाठारातल्या ४०० वर्सां पोरन्या भगवान जगन्नाथ मंदिराकड्ल्यान सुरुवात जाली. केंद्रीयघरमंत्री अमित शहा हांणी आयज सकाळी अहमदाबादेतल्या श्री जगन्नाथ मंदिरात मंगला आरती केली आनी रथयात्रेआदी भगवान जगन्नाथाचे दर्शन घेवन आशीर्वाद घेतले.

## ऑपरेशन सिंधूखाला - १३०

ऑपरेशन सिंधूखाला भारतीयांक भारतात परत हाडपाच्या यत्नात सहकार्य केल्याविशी भारतान इस्रायल, इराण, जॉर्डन, इजिप्त, आर्मेनिया आनी तुर्कमेनिस्तानचे उपकार मानल्यात.भारतीय हवाई दळाच्या विमानांनी झूंजग्रस्त इराणातल्या आपल्या नागरिकांक परत हाडपाखातीर आतामेरेन १४ उड्डाणा केल्यात अशें विदेश मंत्रालयाचे म्हणयारे रणधीर जयस्वाल हांणी म्हळे. इस्रायली हवाई क्षेत्र बंद जाल्ल्यान, भारतीय नागरिकांक लागसरचे देश जॉर्डन आनी इजिप्तात व्हेले आनी थंयच्यान खासा विमानांनी भारतात परत हाडले, अशी म्हायतीय तांणी दिली. भारतान इराण आनी इस्रायलातल्यान आपल्या नागरिकांक परत हाडपाखातीर १८ जूनाक ऑपरेशन सिंधू सुरू केल्ले. भारतान आतामेरेन इराणातल्यान ३,४२६ नागरिकांक भायर काडले, तातूंत ११ परदेशी नागरिकत्व (ओसीआय) कार्डधारक, ९ नेपाळी नागरिक आनी कांय श्रीलंकेतल्या नागरिकांचो आस्पाव आसा. आतामेरेन चार उड्डाणांत ८१८ भारतीय नागरिकांक इस्रायलातल्यान सुरक्षितपणे भायर काडले. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणाखाला सरकाराखातीर भारतीय नागरिकांची सुरक्षा ही सर्वोच्च प्राथमिकता आसा अशें मंत्रालयान म्हळा.

QUAD – 115

अमेरिका १ जुलैक वांशिगटन डीसी हांगा जावपी क्वाड विदेश मंत्र्यांच्या बसकेचे आयोजन करतली. अमेरिकेच्या विदेश खात्याचे उपप्रवक्ते टॉमी पिगॉट हांणी काल पत्रकार परिशदेंत ही घोशणा केल्या. फुडल्या सप्तकांत जावपी क्वाड विदेश मंत्र्यांचे बसकेंत विदेश वेव्हार मंत्री मार्को रुबीओ ऑस्ट्रेलिया, भारत आनी जपानाच्या परराश्ट्र मंत्र्यांक येवकार दितले अशें तांणी सांगलें. विदेश मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हाणी सोशल मीडिया पोस्टत म्हळां की,बसके आदी तांणी ऑस्ट्रेलियाच्या विदेश मंत्री पेनेलोप यिंग-येन-वांग हांचे कडेन द्विपक्षीय सहकार्य आनी इंडो-पॅसिफिक प्रदेशाचेर चर्चा केली. ह्या म्हयन्याच्या 18 तारखेक अमेरिकेचो अध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प हांणी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीचें अंदू नवी दिल्लींत जावपी क्वाड समिटाक हाजीर रावपाचें आमंत्रण मान्य केलें.

क्वाड संघटना ही ऑस्ट्रेलिया, भारत, जपान आनी अमेरिकेंतल्या राजनयिक भागीदारीचो एक समान मंच आसा.

IMD – 85

नैऋत्य मोनसून पंजाब, राजस्थान, हरियाणाच्या कांय वाठारांनी पावला अशें भारतीय हवामान खात्यान म्हळा. फुडल्या 3 ते 4 दिसांत देशांतल्या उरिल्ल्या वाठारांनि नैऋत्य मोनसून आनीक फुडें सरपा खातीर परिस्थिती अनुकूल आसा अशें तातूंत म्हणलां. तशेंच फाल्यां मेरेन केरळ, माहे, उत्तराखंड, राजस्थान, आनी गुजरातात काय सुवातीनि पावस पडटलो असो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला. दिल्ली, हरियाणा, चंडीगढ, हिमाचलप्रदेश, झारखंड, महाराष्ट्र, मध्य प्रदेश, कर्नाटक, कोंकण, गोंय, ओडिशा, तमिळनाडू, पुडुचेरी, आनी कराईकल ह्या शारांनीय आयज पावस पडपाची शक्यताय हवामान खात्यान उक्तायलां.

हॉकी इंडिया मास्टर्स कप - १२०

बायलांच्या हॉकी इंडिया मास्टर्स कप सर्तीतल्या निमण्या फेरीयेत आयज ओडिशा पंगड पंजाब पंगडाआड खेळतलो. काल चेन्नईत जाल्ल्या पयल्या

सेमिफायनलीत सामन्यात हॉकी असोसिएशन ऑफ ओडिशा  हॉकी युनिट ऑफ तामिळनाडू ४ आड १ अशें हारयले. दुसऱ्या सेमिफायनलीत हॉकी पंजाब  पंगडान हॉकी हरियाणा पंगडाक  ३ आड २ अशें हारयले. निमणो खेळ चेन्नईच्या महापौर राधाकृष्णन हॉकी स्टेडियमात दनपारा २क जातलो. तशेच तामिळनाडू पंगड कांश्या पदकाखातीर हरियाणा पंगडा आड खेळतलो. दादल्यांच्या हॉकी इंडिया मास्टर्स कपच्या निमण्या खेळात, हॉकी युनिट ऑफ तामिळनाडू पंगड हॉकी महाराष्ट्र पंगडा आड खेळतलो.  हो खेळ चेन्नईत सांजे ४क जातलो. पयल्या सेमिफायनलीतत, हॉकी युनिट ऑफ तामिळनाडून हॉकी चंदीगडाक ३-० अशें हारयले, तर दुसऱ्या सेमिफायनलीत, हॉकी महाराष्ट्रान हॉकी असोसिएशन ऑफ ओडिशाचेर ४ आड १ अशें जैत मेळयले.